प्रादेशिक खबरो

२२.०७.२०२५ @ ७.25

धनकर 20

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी भलायकेच्या कारणा वेल्यान आपल्या पदाचो राजीनामो दिला. धनखर हाणी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि आदरणीय मंत्रिमंडळाचे मनापासून आभार मानल्यात

गणेश 40

७ वर्सां परस चड सेवा दिल्ल्या रोजंदारी कर्मचाऱ्यांक तात्पुरतो कर्मचारी दर्जो दिवपाची सुधारीत येवजण १ ऑगस्ट २०२५ सावन लागू जातली अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हो म्हत्वाचो निर्णय जाहीर केला. ह्या निर्णयाक लागून सुमार ३,००० कर्मचाऱ्यांक चड वेतन, रजा आनी हेर सवलतींचो लाव मेळटलो. Cm byte

Rashmi 250

मोपा विमानतळासयत दाबोळी विमानतळ लेगीत कार्यरत उरतलो दाबोळी विमानतळ बंद जावचो ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी विचारील्ल्या प्रश्नाक जाप दितना परत एकदा स्पष्ट केला. बाबत जाल्या शापोरा कील्ल्याचे जाता तीतल्या बेगीन दुरूस्ती करची शिवोलची आमदार डीलायला लोबो हानी विचारील्ल्या प्रश्नाक जाप दितना प्रक्रीया पुराय जाल्या उपरांत एका म्हयन्याभीतर हे काम सुरू करता अशे पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी जाप दिली.पेडण्या तालुक्यात परवडपी दरात घरा बांदपाची तजवीज गोय सरकारान केला. हे वीशी उत्तर गोंय जिल्होधीकाऱ्याक सुचोवणी केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दीली.गोंयात प्लास्टर ओफ पेरीसाच्या गणपती मुर्ती विकप्याचेर सरकारान खर कारवाय करची तशेंच गोयात पारंपारीक पद्धतीन चिकट मातयच्यो मुर्त्यो करपी कलाकारांक गणपती मुर्त्यो विकपाक खासा दालन दीवचे अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी केल्या. युनायटेड कींगडमात काम करपी कांय नागरीकांक विसाची मुजत सोपील्ल्यान,तशेंच आवश्यक कागदपत्रा नाशील्ल्या थळाव्या सुरक्षा यंत्रणेन ताब्यात घेतील्ल्या गोंयकारांक सरकारान कायदेशीर सल्लागाराची मजत दीवन तांचो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी आमदार वेन्झी विएगश हांणी केली . प्रादेशिक आराखडो 2021 वरवी रस्तो रूंदीकरण करतना लोकांची घरा,दुकाना तशीच आदली देवळा मोडची पडली तर सरकारान वाचोवची अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी केली. विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सुकोर्णा आशील्ली डोन बोस्को शेतकी म्हाविद्यालयाक मान्यताय नाशील्ल्यान हांगा शिक्षण घेतील्ल्या विद्यार्थ्यांक शेतकी खात्यातल्या नोकरे खातीर अर्ज करपाक मेळना अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दीले. वास्को शारात

उदका पुरवणीचो उणाव जाता,हो प्रस्न सरकारान सुटावो करचो अशी मागणी वास्कोचे आमदार दाजी साळकार हांणी केला. कांय हेर राज्या प्रमाण गोय सरकार फुडारात धर्मांतर विरोधात कायदो हाडपाचो विचार करता. तशेंच गोयात आतंकवादी संघटनांक तेको दीवपी संघटना सापडत जाल्यार ताचेर कडक कारवाय करतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

डेस्क 30

रसत्यावेल्या भटक्या कुत्र्यांचो आणि गोरवांचो प्रश्न सतायता हाचो फटको गोयच्या पर्यटनाचेर बसता कारण पर्यटक भियेतात हचेर सरकरान उपाय काडून कारवाय करपाचे निर्देश पशुपालन खात्याक दिवचे अशे आमदार मायकल लोबो हाणी मागणी केली

सुशांत40

पावसाक लागून घसघशे आनी न्हयो तशेच खणींचेर मारिल्ल्या खंदकांनी उदक भरलां. हेच फाटभूंयेर दक्षीण गोंयच्यो जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी अशा वाठारांत प्रवेश करप्यां आड खर कारवाय करपाचे खासा म्हणल्यार शेनवार-आयतारा गस्त वाडोवपाचे आदेश पुलीस आनी तलाठ्यांक दिले.

रेल 25

कोकण रेल्वेन पयलेच फावट सांगले की ते महाराष्ट्रातल्या कोलाड आणि गोयातल्या वेर्णा मजगती खाजगी गाड्यां खातीर विशेष रोल-ऑन-रोल ऑफ (रो-रो) ट्रेन सेवा २३ ऑगस्ट ते ११ सप्टेंबर मजगती चलयतले बुकिंग कालसावन सुरू जाल्या आणि १३ ऑगस्ट मेरेन करपाक शकता

स्पोर्ट्स 40

Dr. बी सी रोय चल्याच्या कनिष्ठ राष्ट्रीय फुटबॉल सर्तीत गोय्चो तेलंगाना आडचो खेळ गोल शून्य बरोबरीत सोपलो. दुसरो खेळ २२ जुलैक जातलो.

IMD 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 26.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला